२६-०३-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो -

भारताचे सामाजिक सुरक्षा कव्हरेज २०२१त २४.४ टक्के इतले आशिल्ले. २०२४त दुपेटीन वाडून ते ४८.८ टक्क्यांमेरेन पावला अशें आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेन म्हळा.

उत्तराखंडउपरांत, गुजरात हे समान नागरी कायदो-यूसीसी लागू करपी देशातले दुसरे राज्य जातले.

भारतान आपलें पयलें देशी मॅग्नेटिक रेझोनन्स इमेजिंग (एमआरआय) यंत्र तयार केलां ऑक्टोबर मेरेन नवी दिल्लीतल्या एम्सात धाडटले चांचणी खातीर.

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी देशाच्या वेचणूक प्रक्रियेत व्हड बदल करपाखातीर एका कार्यकारी आदेशाचेर सय केल्या.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल अहमदाबादेत जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक ११ धावंड्यांनी हारयले.

ILO - १२०

भारतात सामाजिक सुरक्षा कव्हरेजात व्हड वाड जाल्या. आंतरराष्ट्रीय कामगार संघटनेच्या म्हणण्याप्रमाण भारताचे सामाजिक सुरक्षा कव्हरेज २०२१त २४.४ टक्के इतले आशिल्ले. २०२४त दुपेटीन वाडून ते ४८.८ टक्क्यांमेरेन पावला. ILO जागतिक सामाजिक सुरक्षा अहवाल २०२४-२६ चो उल्लेख करताना केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी कामगार वर्गात सामाजिक सुरक्षा लावांचो विस्तार जाला अशें म्हळें. भारतातल्या तरनाट्यांक कौशल्य आनी सशक्तीकरण दिवपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतायेचेर तांणी भर दिला. हाकालागून तरनाट्यांच्या प्रतिभेचो जागतिक पावंड्यार प्रभाव पडटलो हाची खात्री जातली. 'लोकांमदली गुंतवणूक' ह्या विषयावेल्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनाराट डॉ. मांडवीय उलयताले. रोजगार उपाययेवजणांचेर उजवाड घालताना तांणी २०१४ ते २०२४ ह्या काळात १७ कोटी १० लाख नोक-यो निर्माण जाल्यात अशें म्हळें. तेपेकी ४ कोटी ६० लाख नोकऱ्यो फाटल्या वर्साच निर्माण जाल्या. २०१७-१८ त बेरोजगारीचो दर ६ टक्क्यांवेल्यान देवन तो २०२३-२४ त ३.२ टक्क्यांमेरेन पावला.

गुजरात युसीसी - ९०

उत्तराखंडउपरांत, गुजरात हे समान नागरी कायदो-यूसीसी लागू करपी देशातले दुसरे राज्य जातले. समान नागरी कायदो हे राज्यातल्या सगळ्या लोकांक समान न्याय मेळोवन दिवपाच्या आनी एक भारत श्रेष्ठ भारत ही संकल्पना साकार करपाच्या दिकेन एक पावल आसा,  अशें राज्याचे कायदो मंत्री ऋषिकेश पटेल हांणी राज्य विधानसभेत सांगले. न्यायालयीन प्रक्रियेक गती दिवपाखातीर, राज्य सरकारान राजकोट, सुरत आनी वडोदरा जिल्लो मुख्यालयात तीन नव्या लवाद न्यायाधिकरणांची तरतूद केल्या. राज्यातल्यो नगरपालिका आनी पंचायतींचे खटले लवाद न्यायाधिकरणात चलयतले, असो निर्णय घेतला अशेंय तांणी सांगले. आमच्या खबराकारान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, काल राज्य विधानसभेत कायदो विभागाचे अर्थ संकल्प मंजूर केले.

ट्रम्प कार्यकारी आदेश - १००

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी देशाच्या वेचणूक प्रक्रियेत व्हड बदल करपाखातीर एका कार्यकारी आदेशाचेर सय केल्या. या बदलांप्रमाण, मतदार नोंदणेखातीर नागरिकत्वाचो कागदोपत्री पुरावो गरजेचो आसतलो. ताकालागून वेचणूकेच्या दिसामेरेन सगळी मतपत्रिका मिळतली हाची खात्री जातली.

ह्या आदेशाप्रमाण, अमेरिका मूळाव्यो आनी गरजेच्यो वेचणूक सुरक्षा लागू करपाक अपेशी थारल्या. राज्यांक मतदार वळेरी सामायिक करपाचे आनी वेचणूकेकडेन संबंधित गुन्ह्यांवांचो खटलो चलोवपाखातीर संघीय संस्थांक सहकार्य करपाचे आवाहन हेवरवी केला. ज्या राज्यांनी वेचणूक अधिकारी कायद्याचे पालन करीनात तांका संघीय निधीत कपात जावंक शकता, अशी शिटकावणीय ह्या आदेशात दिल्या. रिपब्लिकन पक्षाच्या वांगड्यांनी ह्या आदेशाचे समर्थन केला. लोकांचो लोकशायेवेलो विस्वास परतून हाडपाहेतान हो आदेश गरजेचो आसा अशें ह्या खासदारांनी म्हळा.

ईएसआयसी - १२०

कर्मचारी राज्य विमा महामंडळ-ईएसआयसीन उत्तर प्रदेशातल्या आनीक १५ जिल्ह्यांनी कर्मचारी राज्य विमा योजना लागू करपाखातीर अधिसूचोवणी जारी केल्या. केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय हांणी ही घोषणा केल्या. आंबेडकर नगर, औरैया, बहराइच, गोंडा, हमीरपूर, जालौन, कन्नौज, महाराजगंज आनी प्रतापगड ह्या जिल्ह्यांचो हातूंत आस्पाव आसा अशेंय तांणी सांगले. आता उत्तर प्रदेशातले ७५ पेकी ७४ जिल्हे ईएसआय येवजणेत आस्पावीत जाल्यात अशेंय तांणी सांगले. हाचो लाव ३० लाखांपरस चड विमाधारकांक आनी १ कोटी १६ लाख लावार्थ्यांक जातलो अशेंय तांणी म्हळे. कर्मचारी राज्य विमा महामंडळाचो हो निर्णय देशातल्या दरेका पात्र कामगाराक सामाजिक सुरक्षा दिवपाखातीर सरकारची वचनबद्धताय दाखोवन दिता अशेंय तांणी म्हळे. हेर अ-सूचित जिल्हे लेगित ESIC अंतर्गत हाडपाखातीर यत्न सुरू आसात, अशें कामगार आनी रोजगार मंत्रालयाने सांगले. ईएसआयसी कामगारांक वैजकी लाव तशेच व्यापक सामाजिक सुरक्षा दिता.

राजीव गौबा - ८०

आदले मंत्रीमंडळ सचिव राजीव गौबा हांची नीती आयोगाचे पूर्णवेळ वांगडी म्हूण नियुक्ती केल्या. झारखंड केडरचे १९८२ च्या बॅचचे भारतीय प्रशासकीय सेवेचे अधिकारी गौबा हे २०१९ ते ऑगस्ट २०२४ मजगती पाच वर्सांखातीर मंत्रीमंडळ सचिव आशिल्ले. तांणी कोविड-१९ प्रतिसाद आनी आर्थिक सुधारणा धोरणांसयत मुखेल धोरणात्मक निर्णयांच्या अंमलबजावणेत महत्त्वाची भूमिका वठयल्या. गौबा हांणी केंद्रीय घर सचिव, शारी उदरगत मंत्रालयात सचिव तशेच झारखंडचे मुखेल सचिव म्हणूनूंय काम केला. प्रधानमंत्र्यांनी मंजुरी दिल्याउपरांत, राजीव गौबा नीती आयोगाच्या हेर पूर्णवेळ वांगड्यांसरकीच सेवा दितले.

जयशंकर - ज्युली बिशप - ८०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर आनी जोड राष्ट्रांच्या महासचिवाची खासा दूत ज्युली बिशप हांणी काल म्यानमारातल्या बदलत्या परिस्थितीचेर चर्चा केली. बिशप सध्या भारताच्या दौऱ्यार आसात. संयुक्त राष्ट्रांचे सरचिटणीस अँटोनियो गुटेरेस हांणी फाटल्या वर्सा एप्रिलात तांका म्यानमारखातीर खासा दूत म्हूण नियुक्त केल्ले. १ फेब्रुवारी २०२१त म्यानमारात जाल्या लष्करी उठावापासून, लोकशाय पुनर्संचयित करपाच्या मागणेखातीर व्हड प्रमाणात हिंसक निदर्शना जाल्ली. थंयच्या प्रतिकार शक्तींनी भारत, चीन आनी बांगलादेश शीमेवेल्या हेर प्रमुख व्यापारी चौक्यो ताब्यात घेतल्यात. म्यानमार हो भारताच्या महत्वाच्या लागसरच्या देशांपेकी एक आसा.

कुणाल कामरा - ७०

महाराष्ट्राचे उपमुखेलमंत्री एकनाथ शिंदे हांच्यावेल्या विनोदांवेल्यान सुरू आशिल्या वादात विनोदी कलाकार कुणाल कामरान माफी मागपाक न्हंयकार दिला. स्टँड-अप कॉमेडियनान मुंबईतल्या ज्या सूवातेर ताची कार्यावळ जाल्ली त्या सूवातेर जाल्ल्या तोडफोडीचो निषेध केला. ३६ वर्षीय विनोदी कलाकाराने ताच्या कार्यावळीवेळार एका लोकप्रिय हिंदी चित्रपटातल्या गाण्याचे बोल बदलून शिंदे हांच्या राजकी कारकिर्दीचेर टीका केल्याउपरांत महाराष्ट्रात व्हड राजकीय वाद निर्माण जाल्लो. एमआयडीसी पोलिसांनी हेविशी कुणाल कामराचेर एफआयआर दाखल केला, फुडल्या चौकशेखातीर खार पोलिसांकडेन हस्तांतरीत केल्या अशें मुंबई पोलिसांनी सांगले.

आपत्ती व्यवस्थापन (सुधारणा) विधेयक - ८०

संसदेने आपत्ती व्यवस्थापन (सुधारणा) विधेयक २०२४ मंजूर केला आनी राज्यसभेत काल ते मंजूर केल्ले. फाटल्या वर्सा डिसेंबर म्हयन्यात लोकसभेन ते मंजूर केल्ले. देशभरात आपत्ती विशीची तयारी, प्रतिसाद आनी पुनर्प्राप्ती वाडोवप हे ह्या विधेयकाचे मुखेल हेत आसा. हे विधेयक आपत्ती व्यवस्थापन कायदो, २००५ त सुधारणा करता आनी हेवरवी राष्ट्रीय आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरण आनी राज्य आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरणांच्या कार्यक्षम कार्याक बळगे देवपाचो हेत आसा.

विधेयकावरील चर्चेक जाप दिताना केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांणी सांगले, आपत्तींचे आकार आनी प्रमाण बदलल्या आनी तेप्रमाण प्रतिसाद बदलपाक जाय.

एमआरआय - ९०

भारतान आपलें पयलें देशी मॅग्नेटिक रेझोनन्स इमेजिंग (एमआरआय) यंत्र तयार केलां, जें ऑक्टोबर मेरेन नवी दिल्लीच्या ऑल इंडिया इन्स्टिट्यूट ऑफ मेडिकल सायन्सेस (एम्स) हांगा चांचणी खातीर धाडटले. सध्या 80-85 टक्के उपकरणां आयात जातात तेखातीर उपचाराचो खर्च उणो करपाचो आनी आयात केल्ल्या वैजकी उपकरणांचेर आदारून रावपाचो हेतू  हेफाटलो हेत आसा. देशी एमआरआय मशीन भारताक वैजकी तंत्रगिन्यानांत चड आत्मनिर्भर करपाक मजत करतलें. ह्या उपक्रमाक लागून वेगवेगळ्या कंपनींक आनी संस्थांक गरजेचे बदल करपाक आनी देशांत संवसारांतलीं सगळ्यांत बरी उपकरणां आसात हाची खात्री जातली अशें पत्रकारां कडेन उलयतना एम्स नवी दिल्लीचे संचालक एम श्रीनिवास हांणी सांगलें.

Delhi cm 130

दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता जांचेकडेन अर्थखाते लेगीत आसा, ताणी काल दिल्ली विधानसभेत २०२५-२६ या आर्थिक वर्साचो अर्थसंकल्प सादर केलो. भाजपच्या फुडारपणाखाला दिल्ली सरकाराचो हो पयलोच अर्थसंकल्प आसा. सभाघरात अर्थसंकल्प सादर करताना गुप्ता हाणी म्हळे, दरेका क्षेत्राची उदरगत आनी विकासाचेर लक्ष केंद्रित करपी एक लाख कोटी रुपयांचो हो अर्थसंकल्पीय आराखडो आसा.

मुखेलमंत्र्यांनी घोषणा केली की अर्थसंकल्पात २८ हजार कोटी रुपयांपरस चड भांडवली खर्चाची तरतूद केल्या जी फाटल्या अर्थसंकल्पापरस दुपेटीन आसा.

आयपीएल - ७०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल अहमदाबादेत जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाक ११ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना पंजाब किंग्ज पंगडान २४३ धावंड्यो केल्ल्यो. पंजाब किंग्जच्या श्रेयस अय्यर हांणे नाबाद ९७ धावंड्यो केल्यो. २४४ धावंड्यांचे मोख गुजरात टायटन्स पंगडा मुखार आशिल्ले. पूण तांका ५ बाद २३२ धावंड्यो करप शक्य जाले. ताका मॅन ऑफ द मॅच म्हूण घोशित केले. आयज राजस्थान रॉयल्स कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ गुवाहाटीत सांजे ७.३०क जातलो.

हवामान – 85

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाखात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या अदमासा प्रमाण जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, दक्षिण आंतराळ कर्नाटक आनी केरळ आनी माहे हांगा एकसुरे सुवातेर गडगड आनी जोगला मारपाचो अदमास आसा. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन दिसांत वायव्य भारतांत चडांत चड तापमानांत ल्हव ल्हव दोन ते तीन अंश सेल्सियस वाड जातली आनी उपरांत तीन ते पांच अंश सेल्सियस देंवतले. चडांत चड तापमान ३९ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान सुमार १८ अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा.